प्रादेशिक   खबरो  11.12.2025 @ 7.25 am

महेश  110

बर्च बाय रोमियो लेन उजो प्रकरणात  अटकपूर्व जामीन मागपी फरार लुथरा भाव, सौरभ आणि गौरव लुथरा यांनी दाखल केली अंतरिम संरक्षणाची याचिका दिल्लीच्या रोहिणी न्यायालयान न्हयकारल्या. मजगती रोमियो लेनचेर जी किते  कारवाय  केल्या ती पर्यटन खात्याच्या हद्दीत अतिक्रमण करून उभारलेल्या अनधिकृत बांधकामार केल्या. पडताळणीत हे काम बेकायदेशीर असल्याचे सापडला , अशी माहिती पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे यांनी  दिली. याच सुवातेवेल्या  अनधिकृत बांधकामार २०२४तय  कारवाय जाली . तरीय  परवानगीशिवाय ते परत  आयील्ले हाका लागून  पर्यटन विभागाक परत कारवाय  करची पडली. खात्यान सदाच कायद्याच्या चौकटीत रावन काम केलां. हाचे आदी बेकायदा बांधकामाय   हटयल्यात. जबाबदार पर्यटना खातीर आमचे खाते कटीबध्द आसा. या मुखारुय  पर्यावरणीय दृष्ट्या संवेदनशील सुवातानी  अतिक्रमण सापडल्यार कायद्याप्रमाण  कठोर कारवाय करतले अशे  पर्यटन संचालक केदार नाईक हाणी सांगला.

Subhash 90

काणकोणच्या आदर्श युवा संघाचो लोकोत्सव १९ , २० आनी २१ डिसेंबराक जावपाचो आशिल्लो. जिल्हो पंचायत वेंचणूकां खातीर मुखार धुकल्ला आणि  हो महोत्सव ओंदू ९ , १० आनी ११ जानेवारी २०२६ हया दिसांनी जातलो अशी म्हायती कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर हांणी दिल्या.

महेश ८०

1 जानेवारी 2026 ची पात्रताय तारखे सयत वेंचणूक नोंदींच्या खाशेल्या खोलायेन पुनरावलोकना खातीर  भारतीय वेंचणूक आयोगान आयएएस महसूल सचीव संदीप जॅकीस  हांका गोंय राज्या खातीर वेंचणूक नोंदी निरिक्षक म्हणून नियुक्त केल्यात .वेंचणूक नोंदी निरिक्षक 16 डिसेंबर 2025 दिसा सकाळीं 10.30 वरांचेर सेमिनार हॉल, रूम  क्रमांक  407, चवथ्या  माळ्यार, मथानी  साल्धना  प्रशासकीय  संकुल, फतोर्डा

हांगा सामान्य लोकां कडल्यान अर्ज/विनंती घेवपाक उपलब्ध आसतले . तशेच लोकांनी वेंचणूक नोंदी निरिक्षकाक ताच्या कार्यालयांत, चेंबर क्रमांक 205, दुसरो माळो, सचिवालय, पर्वरी, हांगाय मेळूं येता वा दूरध्वनी क्रमांक 2419420, 2419646. संपर्क करूं येता:

DIP 30

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत १३ डिसेंबराक सकाळी ११.०० क पिंटो बंडाच्या स्मरणार्थ पणजीत साल्वादोर डिसौझा गार्डन हांगा पिंटो बंडाच्या हुतात्मा स्मारकार पुष्पांजली अर्पण करतले ह्या वेलार पोलिस पथक स्मारकार मानवंदना दितले.

Sir 110

विशेष सघन सुदारणा (एसआयआर)चो दुसरो पवडो सुरू जालल्या पासून ५० कोटी ९६ लाखांपरस चड गणना फॉर्म वितरित केल्यात आशे वेचणूक आयोगान सांगला सुमार 51 कोटी मतदारांतले 99.98 टक्के मतदार ह्या टप्प्यांत आस्पावतले. तातूंत म्हणलां ही गणना फॉर्म सादर करपाची निमाणी तारीक 11 डिसेंबर आसा झालयार केळर राज्यांखतिर 18 डिसेंबर आसा. वेंचणूक नोंदींच्या एसआयआरचो दुसरो टप्पो 4 नोव्हेंबराक णव राज्यांनी आनी तीन केंद्रशासित प्रदेशांनी सुरू जालो.

हे विशी आय्कात कुम्भार्जुवेचे एक मतदार अनिकेत मुरगावकर हाणी उक्तायले मत byte

DIP 140

उत्तर गोंयच्या जिल्लो दंडाधिकाऱ्यान नाईट क्लब, बार आनी रेस्टॉरंट, हॉटेल, गेस्ट हावस आनी रिसॉर्ट्स, बीच शॅक आनी तात्पुरती बांदावळ आनी इव्हेंट स्थळ आनी मनरिजवण आस्थापनां सयत पर्यटन आस्थापनांनी फुगेट्यो, स्पार्कलर, फ्लेम थ्रोअर-प्रकारची उपकरणा, धूर जनरेटर आणि तत्सम धूर निर्माण करपी उपकरणा फोडप वा चलवप प्रतिबंधित केला. अपवादात्मक प्रकरणांनी, जिल्लो दंडाधिकाऱ्यान (वा अधिकृत अधिकाऱ्यान) अंतर्गत आतशबाजी खातीर आदीं बरयल्ली परवानगी घेवून

दिवंक शकता, पूण अर्जदारान सविस्तर सुरक्षीतताय आनी जोखीम कमी करपाची येवजण आनी सुरक्षेच्या पालना खातीर गरजेचे सगळे आदार दस्तावेज सादर करचे पडतले. हो आदेश 10 डिसेंबर सावन लागू जालो आनी आदीं फाटीं घेतले बगर 60 दिसां लागू उरतलो.ह्या आदेशाचें उल्लंघन केल्यार भारतीय दंड संहिता 2023 च्या कलम 223 खाला ख्यास्त दितले.

स्पोर्ट्स45

IPL लिलाव १६ DECEMBERक अबुधाबीत जातलो.वेचिल्या खेळाडूंची वळेरी जाहिर केली. गोयातले तीनुय खेलगडयांची बोली रकम 30 लाख आसा सुयश प्रभुदेसाई ललित यादव आणि अभिनव तेजराणा हांका वेचलयात

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३३.९ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 19 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला